# <u>विकास प्रकल्पांखातीर नाबार्डाची भुमिका म्हत्वाची- मुख्यमंत्री</u>

ता. 23 डिसेंबर 2020

राज्यांतल्या शेतकारांक मुळाव्यो साधनसुविधां आनी अर्थिक मदत दिवन शेती वेवसाय वाडोवपा खातीर सरकारान प्रयत्न सुरू केल्यात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल कांपाल हांगा “शेतकारांची येणावळ वाडोवपा खातीर शेती उत्पादनाचे सामुदायिकरण” ह्या विशयावयल्या एका दिसाच्या परिसंवादाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

राज्यांतल्या अनेक विकास प्रकल्पांखातीर नाबार्ड संस्था आर्थिक मदत दिवन सरकाराच्या प्रयत्नांक म्हत्वाचे योगदान दिता. गोंय राज्यांक आत्मनिर्भर करपाखातीर शेती मळाचेर चड भर दिवपाची गरज आसा. शेतकारांनी आपले शेती उत्पादन वाडोवपा खातीर आधुनिक शेती तंत्राचो वापर करपाक जाय, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

Vocal for local ह्या संकल्पनेक तेंको दिवपा खातीर लोकांनी गोंयकार शेतकारांचो म्हाल खेरेदी करपाक जाय, जे वरवीं गोंयचे शेतकार आत्मनिर्भर जावपाक मदत जातली. तशेंत बँकों आनी हेर आर्थिक संस्थांनी शेतकारांक मदत करची, अशेंय तांणी म्हणले.

नाबार्डाच्या गोंय विभागाच्यो सरवेवस्थापक श्रीमती उषा रमेश हांणी नाबार्ड संस्थेवतीन वेगवेगळ्या विकास येवजणांखातीर सरकारी खात्यांवांगडाच आयसीएआर, बिटस् पिलानी, बँको, सरकारी शाळां आनी बिगर सरकारी संस्थांक मदत करपात येता म्हणपाचे सांगले. तशेंच गांवगिऱ्या वाठारांतल्या युवकांक शेती वेवसाय सुरू करपाक, महिला आप मजत गटांक वेवसाय सुरू करपाक मजत करून  नाबार्ड संस्था स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेक योगदान दिता, अशें सांगले.

नाबार्डा चे वेवस्थापक श्री. सुशांत नाईक हांणी शिंपणावळ, नुस्तेमारी, शेती उत्पादन, ग्रामीण उद्देग, कुणबी हातमाग अशा वेवसायाखातीर मदत करपा खातीर नाबार्डा वतीन अनेक उपक्रम सुरू करपाची येवजण आशिल्ल्याची म्हायती दिली.

रिझर्व्ह बँकेचे सरवेवस्थापक श्री. एन. जे. नामपुथीरी आनी स्टेट बँक ऑफ इंडियाचे सरवेवस्थापक श्री. सुखविंदर कौर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/757

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji